**Panaji National 12th October 2025 8.40am**

- **प्रधानमंत्री धन-धान्य कृषि योजना आनी दाळ उत्पादनात आत्मनिर्भरता मिशन सारक्या येवजनयांक लागून देशांतल्या लाखांनी शेतकारांचे भविष्य बदलतले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.**
- **केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयान राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेशांतल्या इश्कोलांक प्रवेश आनी परिक्षा शुल्क एकठांय करपा खातीर युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस (यूपीआय) आपणावपाचे आवाहन केला.**
- **राष्ट्रीय महिला आयोगान दुर्गापूर वैजकी विद्यार्थ्यानीच्या सामुहीक बलात्कार प्रकरणांत अस्तंत बंगाल पुलिसांकडल्यान 5 दिसां भितर अहवाल मागला.**
- **आयसीसी बायलांच्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकांत आयज विशाखापत्तनमांत भारत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो.**

-------------------------------------

PM

प्रधानमंत्री धन-धान्य कृषि योजना आनी दाळ उत्पादनात आत्मनिर्भरता मिशन सारक्या येवजनयांक लागून देशांतल्या लाखांनी शेतकारांचे भविष्य बदलतले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. ह्यो येवजण्यो आत्मनिर्भरता, ग्रामीण सक्षमीकरण आणि कृषी नवोपक्रमाचो एक नवो अध्याय सुरू करतल्यो अशे तांणी सांगलें.देशाचे शेतकी वेवस्थेंत नेटान उदरगत आनी सुदारणा साध्य करपाची गरज तांणी अधोरेखित केली. प्रधानमंत्री काल नवी दिल्लींत 42 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या साबार प्रकल्प आनी येवजण्यांचें उक्तावण करतकच आनी बुन्यादी फातर घाल्या उपरांत उलयताले.Byte – PM nirbhar – 33

प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, देशांत स नव्यो fertilizer कंपनीय स्थापन केल्यात आनी फाटल्या 11 वर्सांत शेतकारांक 25 कोटी soil भलायकी कार्ड वांटल्यात.

हे वेळार उलयतना कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें, फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणां संयत शेतकी उपकरणांचेर जीएसटीचे दर उणे करून सरकारान शेतकारांक ठाकाय दिल्या. प्रधानमंत्र्यान सदांच शेतकारांच्या हिताक सगळ्यांत चड प्राधान्य दिलां अशें तांणी सांगलें.

-------------------------------------

Modi US

अमेरिकेचे भारतातले नियोजित राजदूत सर्जियो गोर हाणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची तांच्या राबित्या घरा भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सर्जीओ गोर हांच्या कार्यकाळात भारत-अमेरिका व्यापक जागतिक धोरणात्मक भागीदारी आनीक घटमूट जातली असो विस्वास उक्तायला.

त्या आदि, परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी नवी दिल्लीत अमेरिकेचे भारतातले नियोजित राजदूत सर्जियो गोर हांचे कडेन भारत-अमेरिका संबंध आणि ताचे जागतिक महत्त्व हजेर चर्चा केली. सोशल मीडिया पोस्टत डॉ. जयशंकर हाणी म्हळें की तांणी गोर हांका तांच्या नव्या जापसालदारके खातीर शुभेच्छा दिल्या.

तशेंच परराश्ट्र सचीव विक्रम मिसरी अमेरिकेच्या भारतातले नियोजित राजदूताक मेळून ताच्या कार्यकाळाखातीर खातीर येस मेळचे अशीं शुभेच्छा दिली. भारत-अमेरिका व्यापक जागतिक धोरणात्मक भागीदारी आणि ताच्या सामायिक प्राधान्यांचेर तांच्या मदि उत्पादक चर्चा जाल्याचे परराष्ट्र मंत्रालयान म्हळा.

-------------------------------------

PM CEO

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींत एन्थ्रोपिक कंपनीचे सीईओ डारियो अमोदेई हांची भेट घेतली. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हांणी एन्थ्रोपिकाच्या विस्ताराक येवकार दिलो. भारताची चैतन्यशील तंत्रज्ञान परिसंस्था आनी

प्रतिभावान तरणाटे मनीस केंद्रीत आनी जापसालदार आशिल्ल्या एआय नवनिर्माणाक चालना दितात अशें मोदी हांणी सांगलें.

-------------------------------------

UPI

केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयान राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेशांतल्या इश्कोलांक प्रवेश आनी परिक्षा शुल्क एकठांय करपा खातीर युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस (यूपीआय) आपणावपाचे आवाहन केला. प्रशासकीय प्रक्रियांचे आधुनिकीकरण करपाच्या उद्देशान हे पावल उबारला.

-------------------------------------

Bihar

बिहार विधानसभा वेंचणूके आदि राजकीय हालचालींक नेट आयला. एनडीए आणि ग्रँड अलायन्सातले घटक पक्ष जागावाटपाचो फॉर्म्युला अंतिम करपाखातीर बसका घेतात. भाजपा कोर समितीची बसका काल नवी दिल्लींतल्या पक्ष अध्यक्ष जेपी नड्डा हांच्या घरा जाली. हे बसके वेळार केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आनी भाजपाचे हेर वरिश्ठ फुडारी हाजीर आशिल्ले. दुसरे वटेन ग्रँड अलायन्साचे घटक पक्षूय जागे वाटपाचो प्रश्न सोडोवपाचे दिकेन वाटचाल करतात.

-------------------------------------

Vaishnaw

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनाक भेट दिवन नव्यान बांदिल्ल्या यात्री सुविधा केंद्राची पळोवणी केली. पत्रकारां कडेन उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, प्रवाशांची हालचाल सुरळीत जावची म्हणून यात्री सुविधा केंद्र बांदलां आनी ताका लागून स्टेशन भोंवतणी गर्दी उणी करपाक मदत जातली. तांणी सांगलें, प्रवाशांक सहज तिकेट घेवपाक मेळची म्हणून स्टेशना भितर आशिल्ले सगळे तिकीट काउंटर ह्या केंद्रांत स्थलांतरीत केल्यात.

-------------------------------------

WB CM –90

अस्तंत बंगालांत दुर्गापूरच्या खाजगी वैजकी म्हाविद्यालयांत शिकपी ओडिशाच्या विद्यार्थीनीचेर कथित रित्या तीग जाणांनी सामुहीक बलात्कार केल्ल्याचो आरोप आसा. पिडीतेच्या आवय-बापायन एफआयआर केल्या उपरांत पुलिसांनी एकल्याक ताब्यांत घेतला. हि घडणूक कथित रित्या शुक्रारा सांजवेळा म्हाविद्यालयाच्या कॅम्पसा लागसार घडिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया.

ओडिशाचे मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी  हाणी अस्तंत बंगालच्यो मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांकां गुन्यांवकारांचेर खर कारवाय करपाचे आवाहन केला.  ओडिशाच्या जलेश्वर शारांत रावपी पिडीतेचेर कॉलेजीच्या हॉस्पिटलांत उपचार सुरू आसा आनी तिणें पुलिसांक आपलो स्टेटमेंट दिलां. राष्ट्रीय महिला आयोग (NCW च्यो अध्यक्षा विजया रहाटकर हांणी अस्तंत बंगालाच्या डीजीपीक पत्र बरोवन आरोपींक बेगोबेग अटक करपाची मागणी केल्या.

-------------------------------------

Canada

कॅनडाची परराश्ट्र मंत्री अनिता आनंद आयज सावन 17 ऑक्टोबर मेरेन भारत, सिंगापूर, चीन ह्या देशांक भेट दितली. कॅनडाच्या इंडो-पॅसिफिक रणनितीचो एक भाग म्हूण ह्या देशांकडेन द्विपक्षीय संबंद आनी सहकार्याक चालना दिवप हो हे भेटीचो हेत आसा. भारत भेटी वेळार अनिता आनन्द नवी दिल्लींत परराश्ट्र मंत्री एस.जयशंकर आनी वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांचे बरोबर बसका घेतली. वेपार विविधताय, उर्जा संक्रमण, आनी सुरक्षा मुद्द्या सयत रणनिती सहकार्याची चौकट मुखार व्हरपाचेर चर्चा जातली. दिल्ली व्यतिरिक्त, आनंद कॅनडा आणि भारत या दोनूय देशांनि गुंतवणूक, रोजगार निर्मिती आणि आर्थिक संधींक चालना दिवपी कॅनेडियन आणि भारतीय व्यवसायां कडेन संवाद साधपा खातीर मुंबय वतल्यो, असे प्रसिद्धीपत्रकात म्हळा.

-------------------------------------

IMD

केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात आयज काय सुवातींनी उटनगराचो पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयज आंध्र प्रदेश, आसाम, मेघालय, कर्नाटकतलो दर्यादेगेवेलो वाटर, लक्षद्वीप, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, ओडिशा आनी दक्षिण आंतरीक कर्नाटकात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

-------------------------------------

Cricket

आयसीसी बायलांच्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकांत आयज विशाखापत्तनमांत भारत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. हि मॅच दनपरा तीना उपरांत सुरू जातली.

काल रातीं कोलंबोच्या आर.प्रेमदासा स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत इंग्लंडान श्रीलंकेक 89 धांवड्यांनी हारयलो. 254 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करपी श्रीलंका पंगडान 45.4 ओव्हरींनी 164 धांवड्यो केल्यो. हाचे आदीं श्रीलंकेन कुरुबावलो जिखून गोलंदाजी करपाची निवड केली. पयली फलंदाजी करपी इंग्लंडान निर्धारित 50 ओव्हरींनी 9 बाद 253 धांवड्यो केल्यो. कर्णधार नैट साइवर-ब्रंट हाणें 117 धांवड्यांची शानदार खेळी करत इंग्लंडाक एक बरी धावसंख्या उभारपाक मदत केली. नॅट स्किव्हर-ब्रंट हाका player ऑफ the match म्हूण जाहीर केले. आज विशाखापत्तनमांत भारत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो.

-------------------------------------